म्हजी माती म्हजें मळब

3231
P-7Dev
HAR

– हर्षा सद्गुरु शेटये

Konkani
Konkani in Devanagary
script
G- Poum
003231- G
L: B02- R08 (Dev. G)

With Best Compliments From
Dr. TMA PAI FOUNDATION
Syndicate House
MANIPAL-576104

म्हजी माती म्हजें मळब

(कविता)

हर्षा सद्गुरू शेटये

WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY
विश्व कोंकणी पुस्तकालय

बिम्ब प्रकाशन

म्हजी माती म्हजें मळब
कविता
हर्षा सद्गुरू शेटये

Mhoji Mati Mhojem Mollob
(Poetry Collection)
by Harsha Sadguru Shetye

प्रकाशन क्रमांक 52

© हर्षा शेटये

पयली आवृत्ती
2007

छापणावळ
इंप्रेशन, बी-2, अक्षर आर्केड,
गोंधळी गल्ली,
बेळगांव

अक्षर जुळणी
बिम्ब प्रकाशन

मुखचित्र
गिरीश बोरकार

प्रकाशक
दिलीप बोरकार
बिम्ब प्रकाशन, पर्वरी

मोल : शंबर रुपया

हें पुस्तक गोवा कोंकणी अकादेमीच्या पयलो चंवर हे येवजणेखाला छापलां

3231
P-) Dere
HAR

म्हजो बापूय
सर्गेस्त विश्वनाथ कापडी
हांच्या उगडासाक

हर्षा

मांडावळ

१ म्हजी माती खंयची? /1
२ शब्दफूल /3
३ आज तूं येतलो म्हूण /4
४ शेणिल्ले खीण /6
५ फास्की /8
६ एक मळब /10
७ हांव कोण? /11
८ आजोळचो म्हजो गांव /14
९ शालू /16
१० म्हजो बाळकृष्ण तो /18
११ सपनांतली राजकुंवरी /19
१२ तुजे म्हजे मर्दी /20
१३ सांज - काल आनी आज/21
१४ एक याद तुजी /22
१५ सपनां /23
१६ धागे /25
१७ गुलमोहर /26
१८ पावस : १ /28
१९ पावस : २ /29
२० म्हजें आजोळ शेणलां! /31
२१ सवायशीण /33
२२ जल्म /34
२३ अमुरपिकी सकाळ /35
२४ पयसुल्लो पावस /36
२५ एक खेळ नळकुटेचो /38
२६ घर /40
२७ कोन /42
२८ दिवाळी /43
२९ तूं /44
३० तुज्या तळयेवरी दोळ्यांत /45
३१ तीन कविता चान्याच्यो /46
३२ चिंब ओले रेंवेर /48
३३ अर्दकुटी काणी /49
३४ रात /51
३५ एक कळी किरमून गेली /52
३६ यादी /54
३७ सुर्यफूल /56
३८ वाल आनी अस्तुरी /57
३९ दिश्टावो /59
४० संवसाराचे साणीर /60
४१ शेणिल्ले सूर /61
४२ दर्याची मोनी गाज /62
४३ आकुळपिकूळ /63
४४ म्होंवाळ यादी /65
४५ गोठेल्ल्यो यादी /66
४६ पारजत /67
४७ हांव /68
४८ वोताचें एक किरण /69
४९ मुन्नार /70
५० तीन कविता मळबाच्यो /70
५१ दत्तराज - तीन शब्दचित्रां /72

WORLD KONKANI LIBARY
Accn No: 003231

आत्मसोदाची कविता

हर्षा शेटये ह्यो कोंकणींतल्यो एक उदेत्यो कवियत्री. खरें म्हळ्यार तांकां उदेत्यो म्हणप समा जावचें ना. फाटलीं कांय वर्सां त्यो नेमान कविता बरयतात. तेच प्रमाण ताणी कांय कथाय बरयल्यात आनी हालीं ताणी बरयल्लीं सुंदर प्रवासवर्णना वाचपाक मेळटात. तांचें गद्य हें तांच्या पद्या इतलेंच सुंदर आनी अर्थपूर्ण आसता.

खरें म्हळ्यार प्रवासाचें सूत्र हर्षाचे कवितेंत आसा. हो प्रवास बायलेच्या जिविताचो. बायल ही पयलीं चली आनी तिच्या जिवितांत जे बदल जातात ते तांची कविता टिपता. तांची पयली कविता प्रस्नान सुरू जाता.

ती म्हणटा :

केन्ना केन्नाय
म्हाका प्रस्न पडटा
खंयची काय माती म्हजी?
जे मातयेंत हांव किल्ललें ती?

आनी मुखार :

आनी एक दीस
वाजत गाजत म्हाका
दुसऱ्या जाग्यार रूजयलें

मुखार तिसरो पांवडो येता :

म्हाका हांगा रूजूंक जाय
हिवूय माती म्हजी न्हय तर?
मागीर
खंयची काय माती म्हजी?

आमी साहित्याचो विचार करतना ताचे वांटे घालतात. म्हळ्यार दलित साहित्य, पुरूशप्रधान, बायलांचें साहित्य अशें म्हणप कितलें बरोबर असो प्रस्न म्हाका विचारीनसो दिसता. ताका लागून आमचें बरप एकसुरी जाता आनी खूप फावट ताका काळाच्यो शिमो मेरो पडटात. म्हज्या मतान मानवी अणभव हो सगळ्यांत चड म्हत्वाचो आसा. हर्षाचे हे कवितेंत बायलेच्या जिवितांतल्या ह्या संक्रमण काळाचें पडबिंब पडलां. घरांत लग्न जाल्ले बायलेची सुवात कितें हाचेरूय ही कवियत्री विचार करता. ती आपल्याकूच प्रस्न करता : 'हांव कोण?'

हांव कोण
ह्या घरांत म्हजी
सुवात खंयची?
घरकान्नीची
पूण, हांगा तर
म्हजींच मनशी
म्हाका न्हयकारतात

आनी मुखार ह्या प्रस्नाक आपली सुवात शुन्य अशी जाप मेळटा. घरांत बायलेची सुवात शुन्य आसा काय ना हो एक परत चर्चेचो विशय आसा. हर्षाचे हे कवितेंत व्यक्त जाल्लो अणभव सार्वत्रिक अशें म्हणपाक जायना. कित्याक तर एकविसाव्या शतमानांत बायल दादल्या परस एक पावल मुखार आसा म्हळ्यार जाता. निखळ अणभव व्यक्त करपाचे सुवातेर स्त्री वादी नदरेंतल्यान पळोवन साहित्याची निर्मणी जाल्ली आमी आज पळयतात. तातूंत साहित्याचो फायदो जावपाच्या जाग्यार नुकसान चड जालां. हांगा बहिणाबाई चौधरीची याद जाता. तिचे कवितेंतल्यान जे उमाळे व्यक्त जाल्यात ते निखटे एके बायलेचेच न्हय. तिचे वळी वळींतल्यान एका आत्म्याच्यो व्यथा उमाळे व्यक्त जाल्ले दिसतात. आनी हो आत्म्याचो सूर कवितेक उंचाय आनी खोलाय दिता.

आज अर्थकारण हें आमचे जिणेंत व्यापून रावलां. पयसो म्हळ्यार सगळें असो आमचो समज जाला. ताचे मुखार आमकां दुसरें कांयच सुचना. गांवांतले लोक पोटा खातीर शाराचे दिकेन वतात.

हर्षाची कविता म्हण्टा :

गांव सोडून
पोटा खातीर
सवण्यावरीं
मनशांय वतात पयस
खंयतरी शारा वटेन...

हीं मनशां भिऱ्यांवरीं परत गांवांत परतुपी न्हय. हीं मनशां शारांतूच आपलीं मुळां रूजयतात आनी आपले मूळ मातये कडेन आशिल्ली नाळ तोडटात. कवीक ताची खंत आसा. तेच प्रमाण मनशाच्या सुवार्थान केल्लो पर्यावरणाचो इबाड तिका अस्वस्थ करता. वाडट्या घरा खातीर मारिल्लो पारजत ताचें प्रतिक कशें. 'पारज' ही एक सुपुल्लीच कविता. पूण अर्थपूर्ण आसा.

हर्षाचे कवितेचें नीज 'वोताचें एक किरण' सारकिल्ले कवितेंत दिसून येता. तीन चरणांची ही कविता. तातुंतल्यो प्रतिमा आनी भाशेच्या वापराक लागून लक्ष ओडून घेतात.

वोताचें एक किरण
म्हज्या आंगणांत येता
आंगावयल्यान निस्तत
वोले मातयेंत मुंगरता

पळोवंक गेल्यार ही कविता नाजूक तरल अणभव व्यक्त करता. तेच प्रमाण अणभवाक भिडपाची तांक ही कविता दाखयता. एक निखळ अणभव कवितेंतल्यान कसो येवंक शकता ताची गवाय ही कविता दिता. तेच प्रमाण आत्मनिश्ठ कवितेची एक उत्तम देख अशेंय म्हणपाक जाता. खंयचीय एकाद्री घटना घडटकच ताचेर दर एकलो कवी कविता बरोवंक लागता आनीक एकेच तरेच्या कवितांचो हुंवार आयिल्लेवरीं जाता. 'वोताचें एक किरण' ही कविता आमकां refreshing अणभव दिता. देखून तिचें मोल करपाक उतरां उणी पडटात. 'मुन्नार' ही कविताय अशीच landscape चितारपी.

लेव निळ्या कॅन्वासाचेर
धुक्याचो पदर पांगुरलेल्यो

निळश्यो पांचव्यो दोंगुल्ल्यो
धुक्यांतल्यान निस्तत वचपी
धवशीं गोबरीं कापशीं कुपां ....

ह्यो वळी म्हळ्यार मुन्नाराचें एक चित्रूच कशें. मुन्नाराचो सौदर्यानूभव अळंग धरपी आनी ताचो अवकाश आपले वेंगेंत घेवपी. बि. सि. सन्याल ह्या नामनेच्या चित्रकाराचें ह्याच आशयाचें चित्र आसा ताची याद जाता. दुसरें, हे कवितेंत अणभव आटून आयला. निखटी वर्णनात्मक शैली आपणाय नासतना सुचकतायेचेर चड भर दिल्लो दिसना.

कवीन आपल्या अणभवाकडेन प्रामाणिक रावपाक जाय. ताचें जें अणभव विश्व आसा ताचो थाव सोदपाक जाय. मुखेल गजाल म्हळ्यार ताका आपली प्रकृति कितें तें समजुपाक जाय. जाल्यारूच ताका ताच्या फुडल्या प्रवासाची योग्य दिका सांपडटली. हर्षाची कविता ही आत्मसोदाची कविता आनी ती योग्य वाटेन वता. परबीं!

ताळगांव

- माधव बोरकार

मनोगत

'म्हजी माती... म्हजें मळब' हो म्हजो कविता संग्रह म्हळ्यार म्हज्या मनांतले उमाळे कागदार उक्तावपाचो एक ल्हानसोच येत्न.

हांवें तशें बरोवपाक उसरांच सुरवात केली. म्हजी पयली कविता 'शेणिल्ले खीण' हांवें 'जाग' म्हयन्याळ्याक धाडली आनी ती रोखडीच मार्च २०००त छापून आयली. कोंकणिंतले नामनेचे कवी सर्गेस्त शंकरबाब रामाणी हाणीं मुजरत चीट बरोवन ती कविता आवडल्याचें कळयलें आनी म्हाका म्हजे कवितेक व्हड इनाम मेळिल्लेवरीं दिसलें आनी हांव म्हजे उमाळे कवितेच्या रूपांत मांडपाक लागलें. तातूंतल्यान म्हजी शब्दफूल ही कविता जल्माक आयली. एकेक शब्दफूल गुंथून कविता झेलो सोबूंक लागलो. शेणिल्ले खीण सोदतां सोदतां पावलें हांव म्हजी माती खंयची ह्या सोदांत. मागीर सपनाच्या हावेसाची एक मळब झेंप घेवन पावलें निरागस भुरगेपणाचीं शब्दचित्रां रंगोवंक.मागीर म्हज्या अस्तित्वाचो हांव कोण? हो सोद घेत अचळय पावलें म्हज्या आजोळच्या गांवांत. म्हज्या भुरगेपणाच्यो यादी वेंगावपाक आनी तेरें, तायखिळो, घोटां हांचो आस्वाद घेवपाक. मागीर ह्यो यादी कवितेचे रूपांत जाग, बिम्ब आनी कोकण टायम्स हातूंत छापून आयल्यो.

हांगां म्हाका भौ. माधवबाब बोरकार हांचो मुजरत उल्लेख करीन दिसता. म्हज्यो कविता जागाचेर प्रसिध्द जावपाक लागल्यो तेन्ना सावन माधवबाबान म्हज्या बरपाची दखल घेवन म्हाका प्रोत्साहन दिलें. आपूण बरयिल्ल्या साहित्याची कोण तरी दखल घेता आनी मोलादीक सुचवण्यो करता ही गजाल नव्या बरोवप्याक आनीक बरोवपाची स्फूर्त दिता. म्हज्या कविता संग्रहाक प्रस्तावनाय ताणींच बरयल्यां. तेन्ना हांव तांचें काळजाथावन उपकारी आसां.

डॉ. माधवी सरदेसाय हाणीं वेळांत वेळ काडून म्हज्या बरपावळींतल्यो चुको सुदारून दिल्ले बद्दल हांव तांचेंय उपकारी आसां.

म्हजो हो पयलो कविता संग्रह 'पयलो चंवर' हे येवजणेखाला गोवा कोंकणी अकादेमीन उजवाडायल्ले खातीर अकादमीचेय उपकार आठोवप म्हजें कर्तव्य थारता.

चित्रकार सुबोध केरकार हाणीं ह्या कविता सग्रहाक सुंदर चित्रां काडून ताची सोबाय वाडयली देखून तांचे उपकार. बिम्ब प्रकाशनाचे दिलीप बोरकार हाणीं आपलेपणान हो कविता संग्रह उजवाडावन म्हाका सदांच तांच्या उपकारांत दवरलां.

म्हजी मातयेंतल्यान रूजून आयिल्ली आनी मळबाक आफडूंक आंवडेवपी अशीं हीं सपनफुलां तुमकां मानवतलीं हाची हांव आस्त बाळगितां...

मडगांव गोंय - हर्षा शेटये

म्हजी माती खंयची?

केन्ना केन्नाय
म्हाका प्रस्न पडटा
खंयची काय माती म्हजी?
जे मातयेंत हांव किल्ललें, ती?
पूण ना
ती कशी आसतली
म्हजी माती?
होलमूंक लागत सावन
कानार पडलां -
ही न्हय तुजी माती
तूं नाका रूजूंक हांगा
नाका पातळावंक पाळां मुळां
रूजचें आसा तुका
दुसऱ्या जाग्यार
आनी एक दीस
वाजत गाजत म्हाका
दुसऱ्या जाग्यार रूजयलें
अशींच वर्सां गेलीं
सोशीत रावलें
उटंगाराचीं वादळां
पावसाचे हुंवार
आनी वताचे रखरख

घट्ट रूजयलीं पाळां मुळां
सांज रोप्याचो
जालो एक व्हड रूख
खेळयलीं आंगा खांदार फुलां-फळां

आनी अचकीत
एक दीस
म्हजे बियेच्या रोपुल्यान
सांगलें म्हाका -
नडटा तुजी सांवळी म्हाका
आतां निखळाय तुजीं पाळां-मुळां
म्हाका हांगा रूजूंक जाय ...
हिवूय माती म्हजी न्हय तर?
मागीर खंयची काय माती म्हजी?

शब्द फूल

एक दीस अजापच घडलें
अंतर्मनाक फुटिल्ले उमाळे
गर्भांत रूजूंक लागले
एक एक बीं रूजून
शब्दफूल जल्माक आयलें

दर एका जल्मा कणकणी
सोंसल्या जीव घेण्यो वेणो
आकांताचे तळमळे
धादोस जाल्ल्या मना वांगडा
अंदल्ले श्वास मेकळे जाले

एक एक शब्दफूल गुंथून
सोबूं लागले कवितां झेले
कांदळां, सुरंगां, ओंवळां
नवीं नवीं नांवां घेवन
घमघमूं लागले बारशा सुवाळे

झेल्यांचे परमळ चोय दिकांनीं
पातळत गेले
परमळीत जाल्लें शितळ वारें
जियेवपाची नवी उर्बा
घेवन आयलें

आज तूं येतलो म्हूण

आज तूं येतलो म्हूण
सैमान हांतरल्या
पांचवीचार पांयघडी
पारजतान दारांत
घाल्या रांगोळी
मळबान विणलां
इंद्रधणुचो शेलो
जाये जुयेन गुंथला
परमळाचो झेलो
आज तूं येतलो म्हूण

आज तूं येतलो म्हूण
कोगळान लायला
मधूर सूर
खोशयेन चंवरला
रूखान रूख
वारो उमेदीन
आळयता कवनां
घुंगरां वाजयत
नाचता पानां
आज तूं येतलो म्हूण

आज तूं येतलो म्हूण
चित्त म्हजें
ना थाऱ्यार
मन उडटा
ल्हारा ल्हारार
दोनी दोळ्यांच्यो
पेटोवन वाती
पुसल्यो हांवें
फाटल्यो काळख्यो राती

शेणिल्लें रवीण

एक दीस पोरणी मुस्तायकी उस्तीतना
हाताक लागता
भुरगेपणांतलें खेळण्यांचें पेटूल
व्हडे उमेदीन एकठांय केल्लो
मांडकुलो संवसार
रंगीत लाकडी लाटफळें
दातें, रांदन, आदोळी, वान, रगडो, सूप
हळदी कुंकमाच्यो पुंजायल्ल्यो
मातयेच्यो रंगयाळ्यो बुडकुल्यो
झरीचे कुडके, मणयांच्यो माळो
वांगडा इश्टिणिंच्यो यादी
रांदपाचे खेळ
तांबड्यो गुंजो पुंजायतना
जाल्लीं झगडीं
मागीर केल्ली गट्टी फू
परत उलोवपाखातीर केल्लो
बोटांचो खेळ
कालूच घडिल्ले वरीं सगळें....
ती बावल्या-बावलेची जोडी
आंब्या मुळांत माटव घालून
दबाज्यान केल्लें तांचें लग्न
ते खातीर पिंजिल्ली

आवयची नवी साडी
मागीर फाटीर पडिल्लो धपको....
भुरगेपणांतल्यो यादी
म्हजे भोंवतणी नाचतात
एके यादींत दुसरी याद घुसपत
यादींची एक व्हडली माळ तयार जाता
माळेंतलो एक एक मणी
एक एक खीण
म्हज्या काळजाचो कुडको....
अचकीत
माळ तुट्टा
आनी
भरिल्ल्या दोळ्यांनी
म्हजे शेणिल्ले खीण
हांव पुंजायत बसता

फास्की

आमचें नवें ताल्ल घर
भितर सोबीत सजयिल्लें साल
सालांतले वण्टीर
चकचकीत फास्केंत
पांचव्याचार रूखार बशिल्लें
भांगरा कोराचें सवणें
घरांत आयिल्लो गेल्लो
सवण्याची तुस्त करता
सवणें भितल्ले भितर मुरगुट्टा

पूण हालींसरा
सवणें वयर मळबाकडेन
नदर थिरावन
निर्विकार चेऱ्यान उबें
सवण्याच्या पाखांत
मळबाचे दिकेन
झोंपय घेवपाचें बळगें
पूण तें जाणा
ताच्या उडपाक
फास्केची शीम

आनी म्हज्या
म्हज्या उठपा बसपांक शीम
हांसपा रडपाक शीम
चलपा भोंवपाक शीम
हावूय उबें सवण्यावांगडा
ह्या सोबीत सालाची
सोब जावन -
सुखाचें रूपडें घालून
किण्ण दीस घालयत

म्हज्याय आंगांत
मळबाचे अथांग दिकेन
उडपाचें बळगें
पूण म्हज्याय उडपाक
फास्केचीच शीम
ह्या घराच्या
चार वण्टींची

With Compliments from
FOUNDATION
House

एक मळब

एक मळब तांबशें
व्हंकलेच्या वोंठावयल्या
मुमुरख्या हांशाचें
एक मळब निळशें
तृप्त घराब्याच्या
प्रसन्न मुखामळाचें
एक मळब निर्विकार
पिकिल्ल्या केंसांच्या
आमोरे वयल्या जाण्टेल्याचें
एक मळब निरागस
सान भुरग्याच्या
लिकलिकपी दोळ्यांचें
एक मळब आकुळपिकूळ
अस्तुरेच्या अवेळी
विसकटिल्ल्या संवसाराचें
एक मळब अथांग
लख्ख फुडाराच्या
सपनांच्या हावेसाचें
एक मळब कृष्णकुपांचें
धर्तरेच्या गोपांत
घसघश्यांनी रकपाचें....

हांव कोण?

हांव कोण?
ह्या घरांत म्हजी
सुवात खंयची?
घरकान्नीची
पूण हांगा तर
म्हजींच मनशां
म्हाका न्हयकारतात

म्हजेच जोडीचे पयशे
फिक्सांत दवरतलें म्हळ्यार
घोव म्हणटा -
तुका तें इन्वेस्टमेंटाचें
कितें समजता?
तें हांव पळयतां

'घराक कसलो रंग दिवंया?'
हांवें तोंड उगडचे पयलींच
म्हजी धूव अपुरबायेन सांगता-
आसूं आं मम्मा,
तो म्हजो चॉयस्

‘हे सुटयेंत खंय वचपाचें?’
ओठांतल्यान उतर
भायर सरचे पयलींच
पूत पुटपुट्टा -
मम्मा, तें हांव थारायतलों
तू तोंड उगडूं नाका

आज खूब दिसांनी
कुळारच्या जेवणाची याद येता
रूचीन रांदतलें म्हळ्यार -
तुजे ते पचपचीत पनवार
आमकां नाकात
जेवणाचें हांव पळयतां
मांय धेंगशेता

आयदनां मातशी तणशी घेवन्
लिप्प घांस-
हांव सांगतां
पयलीं टिव्हीर दाखयतात
तीच पावडर हाड
वावराडी चणचणटा

मागीर
हांव येवजितां -
म्हज्या घरांत
कितें म्हजो वालोर?
आनी जाप मेळटा
शून्य!

आजोळचो म्हजो गांव

आजोळचो म्हजो गांव
तांबश्या निळश्या मळबाचो
निळशे पांचवे दोंगुल्लेचो
आंब्या-पणसाचो, बिब्या म्हुट्ट्यांचो
काण्णा-चुन्नांचो, म्होंवाळ आडसरांचो

आजोळच्या म्हज्या गांवांत
जायोजुयो, मोगरेकळयो
परमळटात पोरसांनी
गोरवां हांबेतात
गोठ्यां गोठ्यांनी
नितळ वारो सळसळटा
रूखा रूखांनी
पावस घसघसता
वझऱ्या व्हाळांनी

आजोळच्या म्हज्या पोरसांत
माड माडयो
धोलयतात चंवरां
सवणीं गायतात
वाजयत घुंगरां
धवो चांफो

रसरसून फुलता
तुळशी पेडयेर
वात पेट्टा
आज्याचे हात
वासरां पाडकां पोशेतात
कवाथे केळम्यांचेर
मोग ओततात

आजोळच्या म्हज्या घरांत
आज्जेचे रान्नीर
तेरें, तायखिळो
घोटां सांसंव शिजता
आटयल्ल्या दुदांत
आजयेची माया
अचळय घोट्टा

आजोळा रात म्हज्या
ल्हवू ल्हवू देंवता
आजयेचे गोजडेंत
मुंगरून न्हिदता

शाळू

थकिल्ल्या तिच्या हाताक
शाळू लागता लग्नांतलो
लग्नसुवाळ्याच्यो यादी
जागयता तो काळजांतल्यो

थरथरत्या हातांनी ती
ल्हवूच उसयता घडी
जरीच्या पदराचेर अजूनय उबी
ती झगझगीत मोरांची जोडी

खांदार घेवन ती पदर
हारशांत पळयता, दिसता कसो
धवेफुल्ल केंस पळोवन
ओंठार येता मुमुरखो हांसो

धाग्यधाग्यांत घमघमता
तेलाहळडीचो वास
भोंवतणी घुसपट्टा तिच्या
पोरण्या यादींचो रस्मी पास

कल्पनेतलें तिचें रूप
गळ्यांत गळसरी घालून उबें

भांगतिळो पांचवो चुडो घालून
हाताक लावन मेथयेचे तिबे

अंतरपाटाचे कुशीक उबें
मिशयेंत लिपिल्लें म्होंवाळ हांशें
अचकीत मन तिचें जाता पिशें
अशें हें घडलें कशें?

संवसार अर्दकुटो सोडून गेलो
सातांजल्माचो सांगाती
दोळ्यांतल्यो पालोवन वाती
सरल्यो कितल्यो काळख्यो राती

हातांतल्या शालवाचो
विटलो आतां रंग
निर्शेणेचो खीण आयलो
लासून गेले अंतरंग

With Best Compliments From
Dr. TMA PAI FOUNDATION
Syndicate House
MANIPAL - 576 104

म्हजो बाळकृष्ण तो

म्हज्या बाबुल्याचीं पावलां
मोंव मोंव लोणयाचीं
ताचे इल्लेशे दोळे
तांकां सया मळबाची

माणकुल्या बाबुल्याची
न्हीद अपुरबायेची
दोळ्यांत पेंवता रात
मंद मंद चान्न्याची

म्हज्या बाबुल्याचो भोबो
दुदा साकरेचो
पयलो वांटो तातूंत
सदांच कावळ्या चिमणेचो

माणकुल्या बाबुल्याचीं
खेळणीं रंगरंगयाळीं
घरभर लिकलिकतात
जशी पण्ट्यांची दिवाळी

म्हजी इल्लीशी व्हंटी
जाली पुराय गोकूळ
म्हजो बाळकृष्ण तो
तातूंत जाय तसो खेळ

सपनांतली राजकुंवरी

म्हज्या सपनांतली राजकुंवरी
म्हाका लग्ना माटवांत दिसली
गोरे कातीची हांसऱ्या तोंडाची
दिसपाक सामकी लक्तुबायेची

तिच्या पोल्यावेलो काळो तीळ
काळजाक म्हज्या घालता पीळ
ओठांवयलें म्होंवाळ हाशें
लायता म्हज्या जिवाक पिशें

नाक तिचें चाफ्याकळी
पिटपिटीं दोळ्यांचीं पिसोळीं
चाल तिची हरणावरी
उतरां तिचीं मोतयां शिंवरी

तांबडो पोलको ताबडी साडी
गळ्यांत घाल्या पोंवळ्या गळसरी
कपलार सोबता तांबडो तिळो
पसंत आसत काय तिका
म्हजे असलो घोव काळो?

तुजे म्हजे मर्दी

तेन्ना
तुजे म्हजे मर्दी
सपनेल्ल्यो नदरो
निशब्द म्होंवे खीण
अरळ आरपार
गुलाबी मळब

आतां
मळब निर्विकार
मर्दी
आडवेळो पावस झडला
म्होंवे खीण
व्हांवून गेल्यात
आनी नदरो.....
नदरो घुसपल्यात
संवसाराच्या जंवजाळांत.....

सांज – काल आनी आज

कालची एक सोबीत सांज
दोळ्यांमुखार उबी
निळ्या निळ्या मळबापोंदा
पाचवींताल्ल शेतां
शेतांचे धडेक तांबडेगुंज
गुलमोहराचें झाड
ताचेर चिमण्यांचो चिंवचिंवाट
क्षितिजाचेर भांगरा किर्णांचो
अस्तमतेक लकपी सूर्याचो गुळो
सैमाचो एक सुंदर दिश्टावो

आज शेताच्या जाग्यार
एक इमारत उबी
गुलमोहराचें झाड सुकलां
ताचेर कावळ्यांची
किट्ट काळी कांव-कांव
अस्तमतेक लकपी सूर्य
काँक्रीटच्या रानांत
खंयतरी शेणला

एक याद तुजी

एक याद तुजी
चिंब चिंब
मन भिजयता
शिरशिरत्या पावसावरी

एक याद तुजी
मंद मंद
उजवाड फांकयता
निरंजनाचे वातीवरी

एक याद तुजी
ल्हवू ल्हवू
शिरंतरां तापयता
शिंयाळे रातीवरी

एक याद तुजी
मुक्त मुक्त
मळबांत भिरभिरता
सावरीच्या कापसावरी

सपनां

हुमऱ्यावयलें माप लवंडयत
मनांत रंगरंगयाळीं
सपनां रूजयत
पावल घालें ह्या घरांत
दिशिल्लें
सपनां रूजतलींच
पूण
कोणे शिंपलीच ना तांकां
मायेच्या उदकान
मेळ्ळीच ना तांकां
शितळ ओलसाण
फुटलीच ना तांकां
लुसलुशीत आंकरी
तांका नखलामी करत रावली
ह्या घराच्या
वताची खरसाण
निमणे खर्शेवन खर्शेवन
सोडलो हांवें
सपनां रूजोवपाचो हांवेस
आतां म्हजीं सपनां
दिसा उजवाडा सुस्त न्हिदतात
आनी रातच्या काळखान

With ... From ... FOUNDATION ... MANIPAL-576104

सपनांत,
सगळीं आडमेळी हुपून
म्हजें सपन किल्लता
आख्खें झाड जावन
ताळये ताळयेर रंगरंगयाळीं
सपनफुलां फुलयत
झाड मळबा दिकेन झोंपय घेता
म्हजें सपन पुराय जाता
...... आतां हांव ह्याच सपनांत जियेतां

धागे

यादींचे धागे
सोडयतां सोडयतां
चडच घुस्पले
उमाळ्यांचे जोरगतीचेर
कांय धागे उसवले
कांय धागे झिरझिरले
उरिल्ले काळजांतल्यान पाझरले
मनाच्या जुनेराचेर
पीळ घालत
नवें वस्त्र विणीत गेले

WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY
विश्व कोंकणी पुस्तकालय

गुलमोहर

उबाळाचे दीस
वताचो भार
मळब घामेलां
घामाचे खरसाणीन
सैमूय करपलां
घामाच्यो रखरखीत
पावळ्यो पचयत
गुलमोहर चंवरला

भर गिमांतल्या
तापिल्ल्या किर्णांचो
भार सोंसत
सूर्याकय लजयत
गुलमोहर परजळ्ळा

धगधगीत होमखणांतले
तांबडेलाल इंगळे
माथ्यार झेलयत
गुलमोहर रसरसला

तळपटे भुंयेक
शितळकायेचें न्हाण घालत

थकिल्ल्यांच्या जिवांक
थाकाय दीत
गुलमोहर घसघसला

फुलांफुलांतल्यान तृप्तीचें
हांशें फांकयत
तांबड्यागुंज रूपांतल्यान
उदात्त हेतू वदयत
गुलमोहरान गिमाचेर
जैत मेळयलां

पावस : १

मळब आयलें भरून
पानांपानांत नाचता वारो
वाऱ्यावांगडा धोलता
मुखावयलो माड फुरफुरो

पावसाच्यो पावळ्यो
झडटात आंगणांत
मन म्हजें नाचता
मोर जसो रानांत

तुज्यो पाचव्योचार यादी
पावळे पावळेंतल्यान झिरपतात
पोशांत भरतां भरतां
पदर म्हजो भिजयतात

मातयेचो परमळ
स्वासास्वासांत घमघमता
शिरेशिरेंतल्यान आनी
स्पर्श तुजो रूजयता

पावस : २

पावस अपुरबायेचो
घसघशांनीं येता
चिंब चिंब भिजयत
माणकुल्यांचीं व्हडीं
खळयांनीं व्हांवयता

पावस मस्तो
शबय कांडीत येता
खोपींचीं मल्लां उबयत
गरिबाचे चुलीतलीं
लाकडां भिजयता

पावस वर्सावळीचो
नेमान झडटा
शेतां किल्लयत
शेतकामत्याच्या पोशांत
भांगर पिकयता

पावस रूचिचो
एकसारको झडटा
शितावांगडा दाळचो रोस

बांगड्याची किसमूर
जीब लाळ गळयता

पावस असो
पावस तसो
थोडो पडल्यार फळयता
चड झडल्यार व्हळयता

म्हजें आजोळ शेणलां!

कितल्याशाच तेंपान
अचकीत पावलें
आजोळच्या गांवांत
सगळेंच अनवळखी
आजोळच्या घराची खूण
मेळून मेळना
जीव आशेलो
आनी
नदर पडली तुजेर
त्या सगळ्या अनवळखी वाटारांत
तूंच एक संवकळीचो
तूंच इश्ट भुरगेपणांतलो
तूंच गवाय
आजोळच्या पोरण्या घराचो
धव्या चांफ्या......
आजूय तूं तसोच फुलिल्लो
तुजें धवेंफुल्ल चांफाळ हांशें
चोय कडेन फाकिल्लें
पोरण्यो यादी सांसपीत
तुज्या फुलांच्यो गुंथल्यो माळो
गळ्यांत घाल्यो
हातांत घाल्यो

मिरयां मिरयांचो विस्तीद घालून
भोंवलें तुजे खांदये खांदये वयल्यान
तुज्या त्या स्पर्शांत
घुमलो आजयेचो साद
फाटी वयल्यान भोंवलो
आज्याचो माये मोगाचो हात
मनांक सुखायत
यादींत सपनां विरगळायत......
अचकीत
जागेपणांतलें सपन हुपून
पावलें भूतकाळांतल्यान वर्तमानांत
आनी जाणवलें
मुखावयले ते
व्हडले इमारतींतल्या
ल्हानशा फ्लॅटांत
म्हजें आजोळ शेणलां !

सवायशीण

काळ्यो पिड्डुको गळोभर
तांबडो कुकूम कपलभर
जरीची साडी आंगभर
दिसूंक सवायशीण धादोसभर

हिच्या अंतस्कर्णांत दाटिल्लीं कुपां
खेळटात हिचेकडेन आपालिपा
काळजांतलो घाय लिपय
ओठांवयलो उशणो हांसो दाखय

गळ्यांतलो काळो मणी
जिवघेणो फास विणी
कपलावयलो तांबडो तिळो
दिसता हिका लिप्प काळो

आतां जल्माचो सांगाती
जागयता तिगेर राती
हीं सांबाळीत नातीं गोतीं
देवाऱ्यांत जळयता वाती

ती न्हाता मोगान
ही नावाची घरकान्न
समाजांत सोबीत सवायशीण
घरांत विधवेची जीण

जल्म

एक दीस अचकीत
मनांतले तळमळे
ओठांचेर आयले
अंतस्कर्णांतलीं सुखांदुखां
जावन बसलीं शब्दरूपां
वझ्ऱ्यावरी खळखळत
शितळ काव्य ल्हारां
झंकारलीं रंद्रारंद्रांतल्यान
अगणीत आंकूर फुटत रावले
पडंग मातयेच्या कणाकणांतल्यान
नितळ मेकळ्या वाऱ्या वांगडा
सदळ जाले मनावयले ताण
कवितेच्या जल्मा वांगडा
दिसत गेले नवे आंवाट

अमुरपिकी सकाळ

पौशांतली अमुरपिकी सकाळ
हळडिचो शालू न्हेसून
नवी ताल्ल व्हंकल कशी
मोगा दवांत गेल्या भिजून

पयल्या म्होंव्या स्पर्शान
मळब जालां तांबशें
शिंया वाऱ्यान शिरशिरत
धुक्यांत लजून बसलां कशें

हळडुवें हळडुवें तन्नें वोत
दोंगुल्लेक वेंगायता
वारो मस्तेन सळसळत
पानांपानांत कांकणां किणकिणायता

मेरेवयली वोंवळ
झडयता फुलान फूल
मातयेंतल्या परमळाची
मनाक घालता भूल...

WORLD KONKANI ... RE LIBRARY
विश्व

पयसुल्लो पावस

वैशाखाचो भगभगीत दीस
जीव करपला
वताच्या हुलपान
आंगापांगाक लागल्या
पावसाची तान
मदींच वाऱ्याच्या
हून हून ल्हारांनी
खंयच्यान तरी येता झिरपत
मातयेचो ओलो वास
पयस खंयतरी
खूब पयस
झडटा जांवये पावस

झडटा आसतलो खंयतरी
अनवळखी वाटारांत
दोंगरा माथ्यार न्हंयच्या कांठार
चडटे देंवतेर रूखा पेडांचेर
ताळयेताळयेंतल्यान नाचत मोडत
पानांपानांतल्यान थेंब थेंब गळयत....

हांगा म्हज्या मनांत
गडगडटात काळीं कुपां
शिरंतरांतल्यान कोमरेता
पावसांत न्हाल्ल्या
ओल्या पानांची सळसळ
रंद्रारंद्रातल्यान घोगेता
वझऱ्या व्हाळाचो खळखळ
पयसुल्ल्या पावसाची वावझड
चिप्प भिजयता
म्हजो काळजा तळ

From
FOUNDATION
House
MANIPAL-576104

एक खेळ नळकुटेचो

एक खेळ भुरगेपणांतलो
इश्टीणीवांगडा उमेदीन खेळपाचो
नळकुटेचो एक कुडको
उब्यो आडव्यो रेगो काडून
केल्ले स खण
मागीर एका पांयान लंगडी घालत
एका खणांतल्यान
दुसऱ्या खणांत
नळकुटी धुकलप
मदीं पावल खंयच घालनासतना
जुस्त नळकुटेचेर घालप

केन्ना दोळे धांपून
केन्ना नळकुटी भुजार दवरून
केन्ना नळकुटी माथ्यार दवरून
तर केन्ना तळव्यार दवरून
एका पांयार भार सांबाळीत
जांकां ही सर्कस जमताली
तेच जिकताले
जिकप हारप आशिल्लें
खेळा इतलेंच निरागस

आजूय खेळ सोपुंना
पूण खेळपी हांव एकलेंच
लंगडी घालपीय हांव
एका भुजार संवसाराचो
भार सांबाळीत
पावल फुडें घालपीय हांव
रांदची कूड आनी नोकरी
हांचे मदीं मेळ सादयत
सर्कस जमोवपीय हांवूच

आतां हांगा पावला कणकणी
नळकुटी बदलता
तरीकूय हांव पावल
फुडें घालत आसां
म्हज्या अस्तित्वाच्यो
कुरवो सोदत ......

घर

हळडिच्या पांयांनी
हुमऱ्या भायर सरतना
फाटीं वळून
म्हज्या घराक
म्हज्या कुळाराक
पळयलें दोळे भरून

तें चार चोवक्यांचें
नळ्यांचें घर
मदलें आंगण
आंगणांतली तुळस
कोनशावेलें पारजताचें झाड
घरामुखावेले सोपे .....

एके नदरेन
पोरण्यो सगळ्यो यादी
जाल्यो जिव्यो तट्टटीत -
सालांत खांब्या भोवतणी
भांवडां वांगडा खेळिल्लें
आपालिपा कुटुऱ्यो
ओल्तेरार बसपी आजो
काणयो सांगपी आजी

ताचे जिणेंतले ते निमणे खीण
साखरपुड्याचो सुवाळो
एक एक खीण
काळजांत कोरांतलो सासणाचो

फाल्यां कोण सांगत
म्हजें कुळार
ह्याच जाग्यार आसतलें म्हूण?
घडये कोणा बिल्डराची नदर
ह्या घराचेर पडत
म्हज्यो सगळ्यो यादी
बुल्डोझरा पोंदा चिड्डत
हांगा एक व्हडली इमारत
उबी रावत
मागीर खंयचो पारजत
आनी
खंयचो घमघम
त्या चार कुडींच्या घरांत
न्हय, फ्लॅटांत
आसतलो फक्त
गिरेस्तकायेचो घणघण

कोन

तें जल्मांक आयलें
तेन्ना सावन ताचे भोंवतणी
आंखल्यो शिमो मेरो
उलोवप : मेजून मापून
रावप : फास्केंत पितारिल्ले बशेन
वागप : लक्ष्मण रेशेभितर
चड ना, कमी ना
सुकती ना, भरती ना
जाणवता फकत
चोवकोन, काटकोन, शटकोन.......
आयुश्य बंदिस्त करपी
एक एक कोन -
आतां, ल्हवू ल्हवू
हे कोन निखळूंक लागल्यात
सरळ रेशेन चलपी तें
आंगार कोसळपी मळब
भुजांर तोलूंक लागलां

दिवाळी

१

चतुर्दशीचे फांतोडेर
मळब झडयता
नखेत्रांच्यो सरमाळो
घरां घरांचेर....

२

आश्वीनांतले
किट्ट काळे
उमाशे रार्ती
सृश्ट न्हाता
चैतन्याच्या
उजवाडांत.....

तूं

थंय,
तुज्या निळश्या दोळ्यांतल्यान
आषाढ पावळ्यो
झडटात
हांगा
म्हज्या दोळ्यांमुखार
तुजे यादींचे मोर
थुयथूय नाचतात

तुज्या तळयेवरी दोळ्यांत

तुज्या तळयेवरी दोळ्यांत
उमास पुनवेचो मेळ
मलप्यांचे मखमली मेरेर
वोता पावसाचो खेळ

तीन कविता चान्न्याच्यो

१

कोजागिरीचें चान्नें
शेकानशेक
पातळ्ळां
न्हंयच्या
उकत्या
आंगार...

२

रातभर
चान्न्याचो
भार सोंशीत
फांत्या पारार
न्हंयच्या गर्भांतल्यान
उदेतात
उजवाडाचीं किरणां.....

३

पुनवेचें
पिठाळ
चान्नें
पानांतले
जाळयेंतल्यान
नेरायत
नेरायत
अळंग
देंवता धतरीचे
व्होंटयेत.....

चिंब ओले रेंवेर

भांगराळें रस्मी वोत
दर्यादेगेर हुबलें
ल्हारांनी उचांबळून
वेळेर घालून घेतलें

धादोसलेली धर्तरी
दोळे धांपून पडली
चिंब ओले रेंवेर
काळजांतलीं सपनां उदेलीं

अर्दकुटी काणी

म्हजो अपुरबायेचो बाबुलो
न्हिदच्या वेळार आयकता काणी
काणी सदचीच पोरणी
माणकुलो राजकुंवर
ल्हवू ल्हवू व्हड जाता
काणी रंगता .....
बाबुलो काणयेंत रिगता
काणयेंतलीं पात्रां
दुश्ट जादुगार, जादुचो दिवो
मळबांतलो म्हाल....
उमळशीक वाडयता
दोळे मिणमिणायत
बाबुलो आयकता
काणी फुडें सरता
राजकुंवर शेणटा
राजा-राणी रडटात
राजाचे शिपाय
धाय दिको भोंवतात
बाबुल्याचो चेरो
प्रस्न चिन्हांनीं भरता
काणयेंत बुडत
बाबुलो न्हिदता

ATION
MANIPAL-576104

काणी तशीच अर्दकुटी....
माणकुलो राजकुंवर
नशिबाच्या गर्भांत
बिण्ण काळखांत.....
हांव मात रातभर जागत
बाबुल्याच्या प्रस्नांक
जापो सोदतां

रात

चान्याच्या सांगातान
काळखाचीं सोपणां देंवत
जळींमळीं नखेत्रां शिवरीत
रात ल्हवूच देंवली
तुजे भोंवतणी
पोसो रितो करीत
ल्हवूच एक नखेत्र
म्हज्या सपनाळ्या मळबांत
लिकलिकावन गेली.....

एक कळी किरमून गेली

सैमाच्या पोरसांत
भर वसंतांत
फुलताली एक कळी
सावळी तिका
तांबड्या चाफ्याची
आल्लय तिका
वोवळांच्या परमळाची
सांगाताक तिच्या
वझऱ्याचो झुळझूळ
कोगळाचो म्होवो सूर
दिशींमाशीं कळी रसरसली
फुलपाख्या वांगडा धोलली

नदरो थिरावल्यो
भोंवऱ्या गुंगुल्याच्यो
जडलो हांवेस
राजाच्या मुकुटाचो
नदर पडली
फुलकाराची तिचेर
शिरशिरली
पाकळेन पाकळी

जागलीं मनांत
सपनां कवळीं

चाफ्यान शिटकायली
वोंवळान धपकायली
नडलो हावेस
राजाच्या मुकुटाचो
मोह पडलो
फुलकाराच्या पाटल्याचो
जावंक सोदताली
तुरो मुकुटाचो
जावन बसली
सोबा आंबाड्याची
बिण्ण काळखांत
कळी एकली एकसुरी
फुलचे पयलींच
किरमून गेली

यादी

यादी .... यादी ....
असंख्य यादी
यादी अंतरमनाच्यो
अचकीत धांवत येतात
सान भुरग्यावरीं
दिमखुऱ्यांनीं
केन्ना कुपार बसून
चार्दीमामा जावन
म्हाका खुणायत
केन्ना उटंगार पावसांत
कागदाचें व्हडें जावन
म्हाका भिजयत....

अमुरपिक्या भुरगेपणांतल्यो
त्यो मुमुरख्यो यादी
येतात हांसत हांसत
आंगार ल्हवूच
मोरपांख भोंवडायत........

कांय यादी म्होव्यो
ताच्या म्हज्या मदल्या
नाजूक नात्याच्यो
सोनचाफ्याच्या परमळाच्यो

कांय यादी
विखाळ्या उतरांच्यो
हातांतल्या सोबीत गुलाबाचो
वास घेतां घेतां
मदींच कांटो तोंपून
टच्च करून
रगत व्हांवोवपी
काळीजच कोंचून काडपी......

मदींच वाऱ्याच्या ल्हारार
येतात त्यो सुखदिण्यो यादी
काळजाच्या घायार
चंदनाचो लेप काडत....
कांय यादी येतात
लिपचोरयां
मनाचेर शितोडो घालीत
वोवळां जावन
म्हजे व्हटयेंत घमघमत
तर केन्ना
पावस जावन
म्हज्या पोशांत
घसघसशांनी रकत

सुर्यफूल

तुजीं आनी
म्हजीं सपनां
एक मेकांत
भरसून
पेट्टात
तेन्ना त्या
उज्यांतल्या
केणांतल्यान
लसलसत
वयर सरता
हळडुवेंच
सुर्यफूल
मळबाकूय
वेंगावपाची
आस्त घेवन ....

वाल आनी अस्तुरी......?

वाल तुटली मुळांत पडली
घरा मुखावेली जाण्टेली
सदांच म्हण्टा
जाण्टेलेचें व्हीद
कुळाराच सोपलें
चडटी वाल आनी
जुळिल्ली सोयरीक
कोणें मोडची न्हय
जाण्टेलेची आंकवार
धूव म्हण्टा
तिचे सोयरिकेक
सदांच म्होडो ....
वालीक आपलें फळ
जड न्हय
जाण्टेलेची अपंगूळ
धूव म्हण्टा
बाबडेचें सगळें
आवयच करता
मागीर हांव येवजितां
वालीचें आनी अस्तुरेचें
नातें कितें काय?

वालीक वयर सरपाक
जाय आसता
धिगयेचो आदार
घडये अस्तुरेकूय......?

दिश्टावो

जनेला भायर
गाड केसरी मळब
मळबांत
निळ्या गोबऱ्या
कुपांचो नाच
बुडत वचपी सुर्या
घराचे ओडीन पर्तुपी
सवण्यांचें भिरें
पानांपानांनीं फुतफुतपी
सांजवेळचें गूढ वारें
ल्हवू ल्हवू कृष्णकळांनी
काळोख वेंगायता दिगंताक
सांज आमोरी रात ...
एक आगळो वेगळो निर्मणेचो सुवाळो
ब्रह्मांडाचे सासायेचो दिश्टावो
हांव तशेंच उबें जनेलांत
म्हज्या मनाचें
एक एक कल्ल झडयत ...
जनेला भायर पातळ्ळ्या
काजळी काळसाण
भितर किट्ट काळखांत
लखलखीत उजवाड किल्लता
म्हज्या तना मनांत...

संवसाराचे साणीर

संवसाराचे साणीर
गंदाची कांडी कशें
झर झर झरलें
गंदाची शितळसाण
अणभवले बगर
पुराय जिवीत सरलें

शेणिल्ले सूर

मम्मा, म्हाका धल
मम्मा, म्हाका धल
म्हजो धाकलो चलो
म्हजेकडेन पळयत
पांयांक वेंगायत म्हण्टा
आनी तेच लयेंत धोलता...

ताका उखलून सांसपितना
म्हाका मेळटात
म्हज्या मनाचे शेणिल्ले सूर

हांव झाड कशें चवरतां
रसरसून फुलतां
मन म्हजें सवण्यावरी किलबिलत
निकत्याच फुलिल्ल्या झाडाचेर
भिरभिरत रावता

दर्याची मोनी गाज

अथांग हो दर्या
एकटेपणाच्या भयान ल्हारेता
मळब कितलेंशेंच पयस
ताचे खातीर वथरेता

अथांग ह्या दर्याचें
मळबा येदें दूख
शिपये पोटांत लिपता
घेवन मोतयाचें रूप

दर्यांतलीं असंख्य मोतयां
मळबार चडयतात साज
नकेत्रां जावन लिकलिकता
दर्याची मोनी गाज....

आकूळपिकूळ

गांव सोडून
पोटाखातीर
सवण्यावरी
मनशांय वतात पयस
खंयतरी शारा वाटेन
पोट भरतकीच
सवण्यांचें भिरें
परतूंक लागता
घराचे दिकेन

शारांतलीं मनशां मात
शारांतले मातयेंत
रूजयत रावतात आपलीं मुळां-
चंवरत फुलत
आशिकुशीक
आनिकूय रोपे किल्लयत-

केन्नाय आमोरेचेर
वारो गोठेता
झाडांय मोनेळ पांगुरतात
मळबांत झळकता
घराचे ओडीन परतुपी
सवण्यांचें भिरें

तेन्ना मात
आकुळपिकूळ जीव
सांसपूंक लागता
गांवांतलीं पाळांमुळां
पूण
घट्ट रूजयल्लीं
शारांतलीं मुळां
हुमटून हुमटना ....
उदकाळ नदरेक
गांवचे दिकेचो थाव
मेळून मेळना...

म्होवाळ यादी

म्हज्या भुरगेपणांतल्यो
आजोळच्यो यादी
दिमखुऱ्यानी
धांवत येवन
अचळय म्हजे
वेंगेंत रिगतात
तेन्ना जिस्तूच
मांडयेर बशिल्लो
म्हजो चलो
वयर मळबांत
चांदीमामाकडेन
बोट दाखयत
म्होंवाळ हांसता

गोठेल्ल्यो यादी

जेन्ना
म्हजो माणकुलो चलो
लुडब्या उतरांनीं
कावळ्याकडेन उलयत म्हण्टा
तावल्यातात्या, तावल्यातात्या
मामागेल गेल्लो
मामान तितें दिलें?
तेन्ना
म्हज्यो आजोळच्यो
गोठेल्ल्यो यादी
काळजांत उफेतात
आनी
घळळ करून
दोळ्यांतल्यान व्हांवतात

पारजत

घरामुखावेल्या आंगणांत
एका कोनशाक
कितल्याश्याच वर्सां फाटीं
जाण्टेल्यान पारजत रोयिल्लो
सैमीक नेमान
पारजत पालेलो
वाडलो, फुल्लो
श्रावणांत फांतोडेर
धंवशीं, केसरी देंठाचीं
फुलां झडयत रावलो
पारजता वांगडा
ल्हवू ल्हवू घरदार
विस्तारत गेलें
भुरगेबाळांनीं भरलें

आनी अचकीत एक दीस
पारजताच्या मुळार
घाय पडलो
घराक आनीकूय पसरूंक
जाय म्हूण...

हांव

हांव म्हळ्यार गार्गी
हांव म्हळ्यार मैत्रेयी
हांव वंश वाडोवपी जननी
हांव लखलखपी सौदामिनी
हांव सळसळपी वाऱ्याचें ल्हार
हांव धगधगपी इंगळ्याची धार
हांव खोलखोल तळी
हांव फांतोड मखमली
हांव शांतशितळ धर्तरी
हांव आधुनीक स्वतंत्र अस्तुरी

हांव ह्या माथाळ्यांची धनीण
घराच्या परिघा भितर
वाटकुळी वाटकुळीच फिरपी
हांवच शिजोवपी
हांवच खतखतत शिजपी
हांवच म्हजे भितर
उसळपी ज्वालामुखी
थंयचे थंयच गिळपी
हांव एक चलपी भोंवपी माक्न...

वोताचें एक किरण

वोताचें एक किरण
म्हज्या आंगणांत येता
आंगावयल्यान निस्तत
ओले मातयेंत मुंगरता

घुस्मटलेलीं सपनां
गंधाळ वेंगेंत पालेतात
पांचवी पांचवी पालय
मळबाक आफडूंक आंवडेता

घायार पडटा घाय
प्राक्तन कशेंच चुकना
रोपे लवंडले तरी
मुळां तुटून तुटना...

मुन्नार

लेव निळ्या कॅनवासाचेर
धुक्याचो पदर पांगुरलेल्यो
निळश्यो पांचव्यो दोंगुल्ल्यो
धुक्यांतल्यान
निस्तत निस्तत वचपी
धवशीं गोबरीं कापशी कुपां
च्याच्या पानांचो
दिखाळ हरवो
परमळ पियेवपी
पांचवीचार विलोदी धर्तरी
दोळे खिळोवन धरपी
ओल्या वाऱ्यान शिरशिरपी
रसरसशीत आंकवार मुन्नार

तीन कविता मळबाच्यो

१

तू हांसता
तेन्ना
तुज्या दोळ्यांत
उदेता
आश्वीनातलें मळब
नितळ
नितळ
निर्मळ

२

सांजवेळचें
गुलाबी मळब
तुज्या पोल्यार देंवता
तशें म्हजें
आंकवार मन
तुज्यांत रिगता

३

आषाढांतले
आमोरे वयलें
गच्च मळब
तुजे यादी वरीं
घसघश्यांनीं
म्हज्या रित्या
पोशांत रकता

दत्तराज – तीन शब्दचित्रां

१

निकतोच चलूंक लागिल्लो
म्हजो चलो दत्तराज
लुटूलुटू धांवता
हे कुडिंतल्यान
ते कुडींत
चैतन्याचें ल्हार कशें ....
इतलीं वर्सां कांबळ पांगरून
सुस्त न्हिदिल्ल्या
म्हज्या घराक तेन्ना जाग येता
उजवाडाचीं किरणां
झिळमिळटात पांख्या पांख्यातल्यान
वण्टी वण्टींतल्यान फांकता
नितळ टवटवीत हांशें
शितळ चान्न्याची पसय कशें

२

दत्तराज
म्हजो माणकुलो चलो
निकतोच उलोवंक शिकता
मा ऽ पा ऽ ता ऽ ऽ
तोंडांतल्यान उतर भायर सरता

WORLD KONKANI LIBARY
Accn No:003231
With best compliments From
...ATION
...178100

तो ताळयो मारत हांसता
आ ऽ आ ऽ आ ऽ
केन्ना केन्नाय उतर
भायर फुटना
इल्लोश्यो मुठी
जमनीर आपटीत तो
पें ऽ पें ऽऽ पेंपारें सोडटा
आनी अचकीत
एक दीस
आपलो गोरो गुबगुबीत पोलो
म्हज्या पोल्याक घांसत म्हण्टा
म ऽऽऽ म्मा ऽऽऽ
तेन्ना म्हज्या कुसव्यांतल्या दडकांनी
म्हजें आवयपण
चिप्प भिजता

३

म्हजो तीन वर्सांचो चलो
दत्तराज
आपल्या इल्ल्याश्या हातांनी
वणटीर पितारता

... CENTRE LIBRARY ... विश्व कोंकणी पुस्तकालय

रंगरंगयाळीं चित्रां -
चंद्रीम, सुर्या, कुपां, नकेत्रां....
भोंवतणीं निळ्या रंगान
रेग मारून
बंद करता तांकां
मळबाचे फास्केंत
आनी मुमुरख्यांनी
हांसत म्हणटा -
हें पळय म्हजें मळब
तेन्ना ताच्या लिकलिकपी
निरागस दोळ्यांत एकवट्टा
पुराय मळबाचो आवांठ......

3231
P→Dev
HAR

हर्षा शेटये ह्यो कोंकणींतल्यो एक उदेत्यो कवियत्री. खरें म्हळ्यार तांका उदेत्यो म्हणप समा जावचें ना. फाटलीं कांय वर्सां त्यो नेमान कविता बरयतात. तेच प्रमाण ताणी कांय कथाय बरयल्यात आनी हालीं ताणी बरयल्लीं सुंदर प्रवासवर्णनां वाचपाक मेळटात. तांचें गद्य हें तांच्या पद्या इतलेंच सुंदर आनी अर्थपूर्ण आसता.

तिचे कवितेंतल्यान जे उमाळे व्यक्त जाल्यात ते निखटे एके बायलेचेच न्हय. तिचे वळी वळींतल्यान एक निखळ अणभव कवितेतल्यान कसो येवंक शकता ताची गवाय ही कविता दिता. ते प्रमाण आत्मनिश्ठ कवितेची एक उत्तम देख अशेंय म्हणपाक जाता. आत्म्याच्यो व्यथा, उमाळे व्यक्त जाल्ले दिसतात. आनी हो आत्म्याचो सूर कवितेक उंचाय आनी खोलाय दिता.

माधव बोरकार